*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

-

**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक नव्या वर्साची परबीं**

ता. 31 डिसेंबर 2019

राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांणी गोंयच्या लोकांक नव्या वर्साची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, " नव्या वर्साच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक खुशालकाय, शांतीकाय आनी भरभराटीच्या फुडाराखातीर म्हजी काळजासावन परबीं आनी शुभकामना दिता.

नवे वर्स हो उमेदीचो प्रसंग. फाटल्या वर्साच्या अणभवातल्यान आपल्या जीणेत सकारात्मक बदल घडोवपाची ही संद आसा. जीणेत सुधारणा करपा खातीर आमी आमचे विचार ताजे करतात आनी आमची जापसालदारकी पुर्ण करपाक नव्यान तयारीक लागतात. नवें वर्स नव्यो अपेक्षा आनी हावेस घेवन येता. प्रत्येकाच्या जीणेत हो एक नवो अध्याय आसता. सलोखो आनी एकजूटीन रावपाचो आमचो संकल्प मजबूत करपाचो हो प्रसंग आसा.

नवें वर्स प्रत्येकाच्या जीणेत चड शांतीकाय, उत्साह आनी भरभराट घेवन येव," अशें राज्यपाल फुडें म्हणटा.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/817

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA